

गौरिश वेर्णकार



शुन्य

(कविता संग्रह)

गौरिश वेर्णेकार

अर्थ प्रकाशन

.........शुन्यपणाचे धडे शिकोवपी
शाणेपणाच्या मास्तराक

— गौरीश

शुन्य
(कविता संग्रह)

कवी
गौरिश वेर्णेकार

प्रकाशन क्रं - 2

अर्थ प्रकाशन
(पणसुलें - काणकोण)

उजवाडावपी :
योगिता वेर्णेकार

प्रकाशक :
अर्थ प्रकाशन
पणसुलें - काणकोण.
फोन : 2643602, 2643226

छापपी :
शांभवी प्रिंटर्स
नागेशीं, बांदोडें - गोंय.

मुखचित्र आनी भितरली चित्रां :
गौरिश वेर्णेकार

पयली आवृत्ती
ऑगस्ट 2010

मोल : 100/-

शुन्यांतल्यान वाट काडची.........जिणयेंतलो अर्थ सोदचो
सोदता सोदता अर्थाचो .... साक्षात्कार जावचो.

शुन्यांत शुन्याक अदीक करतना
शुन्यांभितर हांव ....
शुन्याची शुन्यांतल्यान वजा करतना
शुन्याच्या सोदाक हांव ...

गौरीली हीं उतरां मनाचो थाव घेतात आनी म्हाका
शुन्यांतल्यान अर्थ दितात.

अर्थ प्रकाशन जल्माक आयलें तें अर्थाच्या जल्मा उपरांतच. 'काणी काणी कोतवां' तल्यान कोंकणीच्या साहित्य मळार गौरीली कवी म्हूण वळख जाली.

गौरी हो फकत एक कवीच न्हय तर काव्याच्या कल्पकतेक कलेची कलाटणी दिवपाची कळाशीय ताका जमता.गौरी हो निजाचो चित्रकार,कलाकार, रचनाकार. आनी म्हणूनच तो हेरांपरस वेगळो. वेगळेपणाचें हें कसब गौरी आपल्या शुन्यांतल्यान आनी अर्थातल्यान मांडटा.

शुन्यांतल्यान निर्माण जावपी अर्थाचो बोध तो शब्दाच्या अंतरमनांतल्यान घेवपाक लायता. आनी कोंकणी काव्यमळार एक आगळी-वेगळी काव्यरचना तयार जाता. शुन्यांतल्यान निर्माण जावपी पोकळी गौरी काव्यांतल्यान दाखयता. हो ताचो वेगळो सोद, वेगळेपणाची जाण शब्दांनी मांडिल्ल्या गणितांतल्यान मेळपी अर्थपूर्ण शुन्य कोकणीच्या मळार दाखोवचो ह्या उद्देशान अर्थ प्रकाशन ताची जापसालदारकी घेता. बारा वर्सा फाटी बरयिल्ल्या ह्या कवितांनी शेणिल्ल्या जिवीताचे रंग आसात,चालू वर्तमानाचें अस्तित्व आसा आनी मांडणेचो अर्थ आसा. हे शुन्याचे अर्थ तुमच्या मनांत शुन्य जावचे आनी तांतूंतल्यान साबार अर्थ निर्माण जावचे.

योगिता वेर्णेकार
प्रकाशक
अर्थ प्रकाशन

मांडावळ

शुन्य गिरतना	- योगिता वेर्णेकार	2-3
शुन्य ब्रह्मांड	-मनोहरराय सरदेसाय	5-8
शुन्यांत	-गौरिश वेर्णेकार	10
1) शुन्य		11-40
2)शुन्य......शुन्य....शुन्य....		40-84

शुन्य ब्रह्मांड

शुन्यांतल्यान अर्थ सोदून काडपाचो हो एक ल्हानसो प्रयत्न. ल्हानशाच अशा कवितांतल्यान जितलो जितलो कवी विचारांनी वाडटा तितलो तो उतरां उणी वापरता. थोडयाच उतरांनी चडांत चड सांगप हें ब-या कवितेचें एक लक्षण. निमाणें काव्य म्हळयार एकेतरेचें शिल्प जावंक जाय.

एका नामनेच्या शिल्पकाराकडेन ताचो शिश्य गेलो आनी ताणे सांगलें, गुरूजी, हांवें हो एक व्हडलो फातर हाडला म्हाका ताचो एक हत्ती घडोवंक जाय. शिल्पकारान सांगलें, ह्या फातरांत जो हत्ती ना ,तें काडून उडय. काव्य म्हळयार एकतरेचें शिल्पच. जो कवी नाका आशिल्लीं उतरां काडून उडोवन शुन्याकडेन पावता ताकाच ब्रह्माचो खरो अर्थ कळटा. शुन्यांतल्यान रेघ तोडपी, परत जोडपी असो हो कवी.

ह्यो धाकटुल्यो कविता म्हळयार जिविताच्या साळकापानावेले थरथरपी, लिकलिकपी दवाथेंबे. एकूच चित्र, एकूच उमाळो, एकूच विचार. नदर ओडून घेवपी त्या थेंब्यावरीच वाचप्यांचें मनूय थरथरता, जिविताचे खिणयाळे चंचलतायेंत थिरावता.

शुन्य ब्रह्मांडात गौरीन आपल्या उतरांतल्यान समाजाचें पडबिंब दवरलां. समाजांतली विशमता,अन्याय हाचीं गणितां मांडल्यात आनी वाचप्यांक सोडवपाक दिल्यांत.

शुन्यांतल्यान शुन्यपणाचे धडे शिकोवपी मास्तराकय ताणे शुन्यांतल्यान वेठीक धरला. वैचारीक, भावनीक आनी तत्वगिन्यानाची बसका आशिल्ल्यो ह्यो कविता. गौरीन शुन्याची प्रत्येक स्थिती तपासल्या.मुळातच चित्रकाराचो पिंड, रंगसंगती, लेआवटाचेंज्ञान आशिल्ल्यान खंयचीय कलाकृती वास्तवाकडेन प्रभावीरित्या तो हाडून सोडटा. आपल्या मोजक्या प्रमाणबद्ध शब्दांवयल्यान ताणे काव्य मांडलां तशेंच सूचकतायेन तें रेखाटलां. ही पुराय कृती कोंकणी साहित्यांत वेगळेंपण दितली.

जो मनाक शुन्य करूंक जाणा ताकाच खरो अर्थ समजता. मनाच्या शुन्यांतल्यान गौरी उतरांचो हो संवसार मांडटा. काव्य म्हळयार उतरांचो खेळ. ती एक लिला.
उतरांचे मुदयेर हीं विचारांचीं दवां..थिकां..
हात लायनास्तना पयसुल्ल्यानच तोखेत रावचीं.

"रखरखत्या वतासावळेक
बसपाचें नासता."

"पात्रां तींच.
नाटकां घडयतात
तीं वेगळीं."

असो हो उतरांतल्यान नाटय सांगपी कवी. सकाळचे रंग भायर वच्चे न्हय म्हूण हो कवी आपल्या कुडीचीं जनेलां धांपता आनी म्हणटा,

"चिखलाक अशें
कितें आसता ?
म्हण कमळ
थंय फुलता ?"

"बी रोवन झाड केलें
आयज सगळ्या झाडांनी
रान उखल्लें."

केन्ना-केन्ना हो कवी रंगयाळीं वस्त्रां पिंजून नागडें-उगडें सत्य दाखयता.

"फुटपाथार आसा तूं
अकरा रुपया दितां."

कवीची नदर संवसारांतल्या सगळ्या वस्तींचेर भिरभिरता. झाडांचेर, सुकण्यांचेर, फुलांचेर, ताटांचेर, रेवेंचेर.

कविता बरोवप म्हळ्यार रेंवेचेर चलप पूण काळाचें ल्हार येता तेन्ना कवीचीं पावलां पुसून वतात. रेवेंत बरयिल्लें पुसून वता. कागदार बरयिल्लें उरता. केन्ना-केन्ना हो कवी जिविताच्यो गांठी सोडोवंक सोदता.

"पतंग उडपाखातीर
सुतार सूत मेळयलें
गांठीच्या वजनान
उडपाचेंच उरलें."

"म्हजेवयलो राग
तुज्या प्रेमाचोच भाग
धर्तरेचेर प्रेम करतल्या
चंद्राकपसून दाग."

अशी ही काव्याची वाट चलतना कवीवरीच वाचपीय भ्रमांत पडटा.
आनी म्हणटा,
"शब्दांचेरच म्हजो
विश्वास ना."

ह्या उतरांनीच कवीच्या जिवितांतलो विरोधाभास उक्तो जाता.
शब्दांचेर विश्वास ना हें सांगपाक शब्दांचोच आदार घेवचो पडटा आनी कवी
म्हणटा तशें,
"ते शब्द शब्द ......शब्दितना
हांव एक शब्द जाला."

ह्या शब्दब्रह्मांत बुडून आमीय शब्द जावचे. शब्दांच्या थेंब्यांत
हय-न्हयशीं हीं संवसाराचीं चित्रां.

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
तांबडी माती,
19/09/2000





शुन्य मांडपी उपकारांत ....!

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय
श्रौ. पुंडलीक नायक
श्रौ. विष्णू सुर्या वाघ
श्रौ. एन्. शिवदास
डॉ. जयंती नायक
श्रौ. देविदास कदम
अकल्पिता देसाई
श्रौ.चित्रसेन शबाब



शुन्यांत शेणटना !!!!

हांव...
जिवितांतलें "शुन्य" दवरतां
शब्दांनी काडिल्ल्या गणितांत
अर्थान गुणिल्लीं काव्य फुलां
विचारान भागयिल्लीं पाळां-मुळां
उतरांच्या वजाबाकिच्यो कळा
मनान दिल्ल्या बेरजेचीं फळां
......बाकी रावता वाट
शुन्याकडेन पावपाची. ......



-गौरीश वेर्णेकर

शुन्य....



शुन्य......!

शुन्य ..शुन्य.. शुन्य..!

शुन्याक शुन्य !

शुन्यांत शुन्य !

शुन्यांतल्यान शुन्य !

शुन्याचेर शुन्य !

......शुन्य .... शुन्य .... शुन्य !

......शुन्य .... शुन्य .... शुन्य !



अंकांचो खेळ
मनांत तुवें धरलो,
आंकडयांच्या वजाबाकींत
मनांतलो शुन्य हारलो.

हांव......
    शुन्य जावन फाटल्यान रावलों,
    शुन्यार शुन्य चडत गेले.
तुजे......
कितलेशेच अंक......
सुखांत गेले,
म्हजेफाटल्यान राविल्लो अंक मात
नशिबाक रडलो.

कोणाल्या तरी
गरजेच्या गुणाकारान
भागीदाराच्या भागाकारान
वादाच्या वजाबाकेन
बेरकेच्या बेरजेन
..........घाल्लो हांवें शुन्य !

शुन्याची रेग हांवें तोडली....

....

.....परत जोडली
.........परतें शुन्य जालें !

त्या शुन्य प्रचाराक
तो शुन्य विचार
मनांतल्या शुन्याकडेन
कितल्या शुन्न्यांचो बाजार ???

त्या शुन्याक
    ब्रह्मांड वेंगेलां
म्हजो शुन्य
    शब्दअर्थान कळमेला.



फुटून आयिल्ल्या त्या शुन्यान
कितल्याशाच आंकडयांचें
  भांड फोडलां
फतकल मारून बशिल्ल्या कोटयांनी आंकडयांनी
सुटनाशिल्ल्या गणितांचे
  मांड सोडल्यात !!!!!

शुन्याची ती पोकळी भरपाक
आंकडयालागीं मनांतलें ओकलें

......................आंकडयान खिणांतच
साखळेक जोडलें !



कलेंतलें शुन्य
कल्पनेच्या अर्थान बावलां
.......कलाकृती पिकयतना
कवनांचो हिशेब चुकला.



बोमलेंतल्यान सुटिल्लीं शुन्याचीं वलयां
 कुडींचो परिघ वाडयत आसात
 ....वाडिल्लें शरीर
आंकडयाच्या उतरांक
शुन्य शुन्यांत विकत आसा.

आंकडयाक जल्माक घालपी शुन्याचो पाडो
गणितान चुकयला
पाडो याद आशिल्ले सगळे विसरल्यात
म्हणुनूच......
शुन्य एके शुन्य जाता,
एके शुन्ये शुन्य जाता.





हांवें बाकी दवरली, तोवूय........शून्य
ताणे परिक्षण केलें, दिलें.........शून्य.

शुन्याच्या उजवाडांत, तो काळखी ......शून्य

गणिताकूय लागलें गिराण
जालें..................शुन्य.

दोनूय कल्पना तुज्योच
....
बरोबर आसतनाय
शुन्य दिवपाचे ,
नापास जाल्या उपरांत
शुन्याच्या चुकीचेर रडपाचें .

म्हज्या शुन्याचो
खुबशा आंकडयांनी भोग घेतला.
मुखार दवरून मिरयला
फू क मारून फुगयला
तकलेर दवरून मेळटा थंय उडयला.

पूण ......

एक आंकडो असो
तो म्हजो !
म्हाका सोडता
हांव ताका सोडता.

हांवें एक शुन्य काडला
शुन्य बदलपाखातीर,
मुद्दाम चड्डूच गिरयला
वळख विसरपाखातीर,
आडवो, तिडवो उबो दवरला
आंक सोदपाखातीर.

जिवनाचें शुन्य
तुज्या रिणांत दवरतां.
नशिबान केल्ल्या आंकडयांचें
व्याज चुकयतां..............



शुन्य प्रश्न तपासतना
तुवें वाटकुळें वर्तुळ केलें आनी मुकार गेलें...
जाप पटली ना खरी
वर्तुळाचें माप मानून घेतलें.

प्रयोग म्हूण दोळे धांपून
मेंदवालागीं शुन्य हाडचें
शुन्य जावचें.......
जिणेंतल्या चुकिल्ल्या गणितांतल्यान
शुन्य काडचें.......
शुन्य जावचें.......

शुन्याचें हांव माप घेवपाक गेलों
.............हातायेदें मळब कमी पडलें
खोलाय पुरोवपाक गेलों
..............................धर्तरेची मातीय कमी पडली
अर्थ सोदपाक गेलों
लेखणेच्या थेंब्यातूच तो भरलो.

योगदान म्हूण
विचारांच्या वळीर
कल्पनेचें शुन्य दवरलें
....
तिरस्कारान कोणे खोडलें
....
आनी........
शुन्य म्हजें थंयच गिरलें.



गरजेभायर जिवीत
शुन्यान भागयन उडयलें
जिवनाची ऑफर घेवन
आयिल्ल्या आंकडयांक हारयलें.

जिवितार्चे गणित
त्याच अंकान घुस्पायलां
शुन्यान भागाकार जायना म्हण
पाटयेवेलें गणितच कोणे पुसयलां.

घाल्लें गणित केन्ना....चुकना
.......जाप चुकता
जबाबदार मात
शुन्याक धरतात

म्हाका खबर आशिल्लें
शुन्याक भागाकार जायना म्हण,
..... उत्तर जाय म्हूण सोपूत घालो
तुज्या उतराखातीर शुन्याक मापलो.



तशी कितलेशीच बुडबुडे
उदकांत येतात
फुतफुततात ......
शुन्य जिणेची गवाय,........ थोडेच दितात.

खंयच्या आंकडयाफाटल्यान रावचें ?
.... होच प्रस्न ? ? ? अडला
पूण ......
हेंवूय शुन्य
आंकडयाच्या भानगडेंत येवन पडलां.

शुन्याक शुन्यपणाचे धडे शिकयतना
शाणेपणाच्या मास्तरान
अदीक, गुणा, वजा, भागाकाराचीं
हत्यारां आंकडयांलागीं रितसर वाटल्यांत
सांगाताक सत्वांय बाटल्यांत.

अरे...
धार...धार...ती धार
वार...वार...तो वार

आयज
शुन्याक सुटला
शुन्यांतल्यानच भार.

आतां सगळयांक कळ्ळां
शुन्यांतल्यान हांवें जग केलां
जगाक भोंवताडो मारतना
घडये हांव शुन्यांतच उरलां.



शुन्य....
शुन्य...
शुन्य..

हातांवयल्या रेशांकडेन
तुमी म्हाका खोळयले
भविश्य बदलपाखातीर
हांवें हातांक जळयले.

केन्ना केन्ना परिक्षेकूय बसपाचें
प्रश्न तुमचेच......
जापा तुमच्योच...........
परिक्षकय तूंच........
....

आंकाची बेरीज करून
मोठ्ठयान हांसपाचें......



उमाशेक पडपाच्या पुनवेसपनाक
पंदरवडो वता
आनी......हांव पंदरवडो राखतना
कोणतरी पुनवेकच खाता......



आज थोडोतरी उजवाड
जाय आशिल्लो
म्हज्या सुर्याक कुपांनी खांय लिपयला
पळोवपाक जाय आशिल्लो.



..........नागडो जालो
थंय नागोवन गेलो
ते दिसा ...... शेंबडो पोरपसून
चड्डी घालून गेलो........

....

................रात लिपोवपी जात म्हजी
मनीसपण शेणयत गेल्या
नात म्हजी कात सोडून
ते रातींचीं "नातीं" सोदत गेल्या......

वाचतां......वाचतां......दिवोच पालवलो

....

....

कितलें बरें जालें

म्हूण ...... त्या चान्न्याकडेन

लक्ष गेलें......

खांयच्या खांदयेर घर बांदचें
............होच प्रश्न पडला
तें घर कोणाल्या तरी
घोंटेराचेर वाडलां......

काळखांतल्या मनशांक
काजव्याची वात
    दिसाचीं किरणां
    राती अनाथ......

मनांतल्या हारशाभितर
आपलेंच प्रतिबिंब पळोवचें
ताळयांतलें उश्टें काडून
कांचेच्या हारशार थुकचें.....
....

दोन हाताचे देव नासतात
म्हूण चार हातांच्या
देवाकडेन हांव मागतां............
तोवूय दोन हात करता.

रेब्यान रेबाडिल्ल्या
रेडयाफाटीर बसतना
त्या काळया कावळयाक खबरच ना......
एक सुंदर रंगीत फुलपाखो
ताच्या आंगावयल्यान गेलो
......आनी म्हज्या आंगार बसलो.

.........................काळो कावळो
पांचव्या मळावयल्यान गेलो
एका फुलान म्हळें,
"म्हाका भश्टें केलें".

तीं फुलां
वेगवेगळया रंगानी फुलतात
.......खेळटात
.......तेळतात
.......गळटात
.......सुकतात
....
मागीर एकाच रंगांचीं दिसतात.

दोरयेचेर विश्वास ना म्हूण
पतंगाक शेपडी दवरली
समानताय   जाय म्हूण
मळबान शेपडीच कातरली.......

........................कोणाखातीर,
........................कित्याखातीर,
........................खांयमेरेन,
जिवनाचें हें गीत
गायत रावप थडग्यामेरेन.......

बी रोवन हांवें
झाड केलें......
आयज सगळ्या झाडांनी
रान उखल्लें.

सांज जळटना
उजवाडाची सावळी घेता
उपरान्त ...... रात लासपाक
काळखांतलो सूर्य येता......



जनावरांच्या पिलावटेक
हांवें एका मनशाक सोदलो
प्रत्येकटयान फुलां तुरे घालून
तांचो देव म्हाकाच केलो ......

आळवापानांवयलो दवा-थेंबूय
म्हज्या वाटेर येता
जगाच्या दुकांकडेन ...... आपूणय खोळटा
हें म्हाका दाखोवन वता ....



संपूर्ण पराभवान पिकलें
आयुश्य,
म्हजीं शस्त्रांच
चोरून गेले शिश्य.



म्हज्या आंगणात रावन
म्हाका मळबांत सोदनाका
दोळयांतलीं दुकां हातांत धर
हांव लकलकतां ....

फातरार कुकूम लायतगीर
देव जाता ......
हांवें सगळयांक लायलो
सगळे राक्षस जाले.

पतंग हातांत आसतना
शिकयता तसो शिकता
मळबान कान भरल्यार
नाका तें शिकयता.......

हिजडो उलयता
लिंग - मदनाचेर
रांड उलयता
संबंद जोडपाचेर ....

चिखलांत अशें
कितें आसता ?..............
?.....?.....?
म्हूण ......
कमळ थंय फुलता ....



म्हज्या गांवची वळख सांगतना
तुमच्या गांवचे पेड हांव खुणायतां
पेडाक जाणात तर खरे
म्हजो गांव तुमकां जाणवता.

पतंग उडपाखातीर
सुतार सूत मेळयलें
गांठीच्या वजनान
पतंगाचें उडपाचेंच उरलें ......



भक्तीखातीर भगत सोदलो
.............आरेच्च्या
हांव तर आतां देव जालों.



फुटपाथार बसतना
कोणे म्हजी किंमत विचारली
....

हांवे म्हळें, एकशे अकरा

शोरूमाक गेल्यार होच नग
एकहजार एकशे अकराक वता ....
ताणे म्हळें,
....

"फुटपाथार आसा ....
अकरा रूपया दितां."



सपनांचो गांव दितना
म्हज्या मनांत कांय ना
आयज म्हज्याच शब्दांचेर
म्हजोच विश्वास ना ......

म्हाका
तुजी याद येना
.... प्रत्येक श्वासांत तूं आसता ....

तूं सपनांत येतलें म्हूण
रात रात राबलों
तुज्या यादीन सकाळचो
उजवाड थांबलो

आमची वळखच जावपाक
नाका आशिल्ली
तेन्ना वादळाक कारण मेळ्ळें
आतां पावस निमित्त सोदता ......

म्हजेवयलो राग
हो तुज्या मोगाचोच भाग
धर्तरेचेर मोग करतल्या
चंद्राकूय डाग.

तूं मानता
हांव मानचो ना
ते तुका मानतात
हांव पडचो ना



घडयाळीची आतां अट कित्याक ?
......हांव तर वेळ घेवन आयला.

तुजें कूळ म्हजें कूळ
हातूंत .... एका वेताचें अंतर....
....
तुजीं पाळां आखडून पडल्यांत
म्हाका मुळाच नात.

दुबावान धरलें
फुल-पाखरू जिविताचें
 उडले फांकावयले ....विश्वासाचे रंग
....
....
....बेरंगी जिवित
म्हजें आनी तुजें

अजूनय आमकां तीच सवंय आसा
दर दिसा दर्यावेर
....संवसार मांडपाचो
....प्रदर्शित करपाचो
....
सांज जाली रे जाली
आपणेच मोडून उडोवपाचो.

सपनांचो गांव दितना
म्हज्या मनांत कांय ना
आयज म्हज्या शब्दाचेर
म्हजो विश्वास ना.

नाटकां तींच
पात्रां मात वेगळीं
रंगमाचयेर येतकीर कळ्ळें
पात्रां तींच, नाटकां घडटात वेगळीं.

ते शब्द ...... शब्द ...... शब्दिताना
हांव एक शब्द जालां
आनी म्हज्या शब्दांभितर
अगणित शब्द बांदून गेला ......

गौरीश वेर्णेकार

गोंय कला महाविद्यालयांतल्यान वेवसायीक कलेची (Fine Arts) ची पदवी.
कुशळ चित्रकार, रचनाकार, छायाचित्रकार, संघटक म्हूण कोंकणी मळार वावर.
सद्या चित्रकलेचो शिक्षक म्हूण श्री कात्यायनी बाणेश्वर विद्यालयांत.
संगणकीय ज्ञान आनी नव्या तंत्राचो वापर कोंकणीच्या साहित्य, कला मळार करता.
तांच्या कसल्याय कलाकृतींतल्यान तांच्यांतलो रचनाकार, चित्रकार आनी कलाकार ठळकपणान दिश्टी पडटा.
कोंकणींतल्यान प्रकाशीत जावपी पुस्तकांनी, वेवसायीक नाटकांनी, फिल्मांनी आनी कार्यावळींनी पूर्वीचित्रां आनी मुखपृश्ठां दिल्यांत.

"काणी काणी कोतवा" काव्यझेलो 2002 वर्सा, गोवा कोंकणी अकादेमीच्या अस्मिताय वर्सा पयलो चंवर अनुदान येवजणेखाला उजवाडाक आयलां.
"अस्तित्व" "प्रश्न" ह्या नाटयबरपांक, कला अकादमी,पणजी आयोजीत नाटयसर्तीत लेखनाचें आनी दिग्दर्शनाचें इनाम फावो जालां.
"घुमट"-एक प्रकृती आनी संस्कृती" हया विशयाचेर प्रकल्प बरयला.

"बुयांव विथ लव्ह", "गित तुजें गायतना", "व्हॅल्ली ऑफ कलरस्", "समृद्धीचा सिद्धिविनायक", "श्री क्षेत्र मल्लिकार्जुन" हया सिडींखातीर गीतरचना केल्यात
"काणकोणचीं तरंगां" हया संस्थेचे संस्थापक अध्यक्ष म्हूण कार्यभार सांबाळ्ळा.
साहित्य अकादमी दिल्लीमार्फत खासा लेखकांखातीर आशिल्ल्या प्रवास अनुदानाखातीर निवड जावन 2008 सालांत दक्षिण भारताची भोंवडी.

पुणे - हांगां भारतीय साहित्य अकादमी - दिल्ली हांणी घडोवन हाडिल्ल्या लेखक संमेलनांत कवी म्हण गोंयचें प्रतिनिधित्व.

नेहरू युवा केन्द्राच्या,गोंयचो 2002-03 सालाचो नेहरू युवा पुरस्कार फावो जाला.
समर्थाचें पुस्तक उजवाडायिल्लेखातीर अक्कलकोट स्वामी समर्थाच्या वेवस्थापन कमिटीन श्रीस्थळ अक्कलकोट हांगां डिसेंबर 2007 त भोवमान केला.

गोवा कोंकणी अकादेमीन 2010च्या वर्धापनदिसा उत्कृश्ट सेवेखातीर भोवमानीत केला.
दैवज्ञ ब्राह्मण संघ, फोंडेच्यावतीन आदर्श कलाकार व्यक्तीमत्व म्हण भोवमानीत केला.
"गोवा दर्शन यात्रा" ह्या सीडी निर्मितीखातीर मुख्यमंत्र्याच्याहस्ते भोवमान.

Arth
अर्थ प्रकाशन